## Aakashvani Panaji Regional news 7.25 am 23rd November 2025

Mhaje ghar

गोंयांत जमनीचें दर वाडील्ल्यान कांय भाटकार मुंडकारांच्या घरां सयत आपल्यो जमनी विकपाक लागल्यात. हे फुडे मुंडकाराक ताच्या नांवाचेर जमीन करुन दिले बगर भाटकाराक जमीन विकूंक मेळची ना अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी स्पष्ट केला. शेनवारा तांणी राज्यभरांतल्या पंचायतीं तशेच पालीकांकडेन वर्च्युअल पद्दतीन संवाद सादलो. ह्या वेळार तांणी म्हजे घर येवजणे विशीं म्हायती दिली.हे संबंदी मुखेलमंत्री कार्यालय, महसूल खातें आनी पुलीस खात्याकडेन लेखी कागाळी आयल्या. पोरणे भाटकार गेले आनी नवो मनीस त्रास दिता अशी कागाळी येवपाक लागल्यात. हे फुडें अशें जावचें ना. देखूनच आमी कायद्यांत बदल केल्या अशे ताणी सांगले. मुंडकाराक लेखी स्वरुपात जमीन दिल्ल्याचे मामलेदार कार्यालयाक कळोवचें पडटलें. तेन्नाच ताका उरिल्ली जमीन विकपाक परवानगी मेळटली. म्हजे घर खाला दुरुस्ती परवानो तशेंच घर क्रमांक विभागणी दिवपाची प्रक्रिया जलद केल्या. घर क्रमांक विभागणी जाले उपरांत शौचालय बांदपाची येवजण परतून सुरू करतले.सरकारान म्हजे घर येवजण सुरू करून मूळ गोंयकारांक फायद्याचे केला. म्हजे घर येवजणे खाला अर्ज करपाची मुजत 4 एप्रील मेरेन आसा. ही सवलत फकत एकदांच मेळटली. देखून लोकांनी मुजती भितर अर्ज करप गरजेचे आसा, अशे ताणी सांगले.

---

**शेखर कपुर IFFI**

Artificial intelligence (AI) चो उपेग आता सगळ्याच मळार जावपाक लागला,तसोच ताचो प्रभाव आता सिनेमा मळार लेगीत व्हडा प्रमाणात जाता .मात AI human emotion व्यक्त करपाक शकना.AI हे एक तंत्रगिन्यान ताचो उपेग कामात सोपेपणा हाडपाक हे तंत्रगिन्यान आयला अशे मत iffi चे festival

director शेखर कपुर हांणी म्हणला.जाल्यार AI चो फुरारात सिनेमात चडान चड उपेग जातलो .ताचो उपेगाची सुरूवात जाल्या.धावत्या काळातले जगात AI ही फुडाराची गरज जाव येता अशे मत berlin ची festival director tricia tuttle हिणे म्हणला. iffi च्या in conversation विभागात do we need to redifine cinema in world of AI ह्या विशयाचेर संबंधित मानेस्त उलयताले.AI तंत्रगिन्यान मात सिनेमा मळार नवीन आव्हाहना तयार करतले .तशेंच फुडारात मोबायलात लेगीत सिनेमा सहज तयार करप AI च्या मजतीन तयार जातले.सिनेमा वांगडाच शेती पिसुन नितळसाण आनी हेर मळार AI चो उपेग जायत जिल्यार समाजात व्हड बदल जांवक शकता अशे मत ह्यावेळार दोन्हुय मानेस्तांनी व्यक्त केला.

---------------------------------------------

**कोंकणी साहित्य संमेलनाचे उक्तावण**

बहुभाषी देश आशिल्ल्या भारताची विविधताय ही ताची सगळ्यांत व्हडली संपत्ती आनी अशा वेगवेगळ्या संस्कृतायांचे संगम आशिल्ल्यानच देशाची एकता आणि अखंडता घटमूट उरल्या अशे मत सरस्वती सम्मान पुरस्कार जैतवांत मलयाळम कवी प्रभा वर्मा हांणी आयज उक्तायले.केरळांतल्या एर्नाकुलम शारांत घडोवन हंडाल्ल्या 26व्या अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनाचे आयज राव हांणी उक्तावण केलें. ह्या संमेलनाचे अध्यक्ष ज्येश्ठ कोंकणी कवी माधव बोरकर जावन आसात.व्हड तत्वगिन्यानी डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांच्या "भारतांत साहित्य जायत्या भाशांनी बरयल्लें आसलें तरी तें एक साहित्य" ह्या वाक्यां पासून आपलें उलोवप सुरू करून वर्मा हाणी सांगलें की भारताची बहुभाशीकता आनी बहुसंस्कृतीकता हे दोनूय घटक भारताचो एकवट आनी एकात्मता तिगोवन दवरतात. एका भाशेंतल्या साहित्याचो दुसरे भाशेंत अणकार केल्यार वेगवेगळ्या संस्कृतायांचो सुसंवादात्मक एकवट निर्माण जावंक शकता, ताका लागून खऱ्या अर्थान 'संवसारीक गांव' (global village) तयार जातलो अशें मत ताणें उक्तायलें. वर्मा हाणी कोकणी भाषेची तोखणाय करताना कोंकणी भास इतले पातळेचेर पावल्या की नोबेल पुरस्कार मेळोवपी खंयचेय भाशेंतल्या साहित्याकडेन

कोंकणी भाशेंतलें साहित्य तुळा करपासारकें सक्षम जालां अशें मत तांणी उक्तायलें. संमेलनाचे अध्यक्ष माधव बोरकर हाणीय आपल्या उलोवपांत साहित्य अणकाराची गरज खरपणान मांडली

---------------------------------------------

SIR

गोंयच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान नागरिकांक गणना फॉर्म सादर करपाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर एसआयआर 2026 रील सर्त जाहीर केल्या. सहभागी हया उपक्रमाची प्रचार करपी 60 ते 90 सेकंदांचो इंस्टाग्राम रील तयार करूंक शकतात आनी सीईओ गोवा हँडल टॅग करून पोस्ट करूंक शकतात.

---------------------------------------------

Imd

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 34 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 22 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

---------------------------------------------

Sports

स्क्वासांत काल इंदौरांत जाल्ल्या इंडियन ओपनांत भारतीय विलक्षण अनाहत सिंग हिणें जोश्ना चिनाप्पा हिका हारोवन बायलांचें खिताब जिखलें

---------------------------------------------